Date :29 /04/2025

प्रादेशिक खबरो

7.25 AM

हवामान 140

हवामान शितळ राखपा खातीर नगरपालिका वाठारांतले मेकळ्या सुवातांचो ग्रीन लंग्स म्हणल्यार झाडां लावन रानाची उदरगत करपाचो प्रस्ताव आसा. हाका लागून राज्यांतल्या नागरिकां कडल्यान सुचवण्यो मागयल्यात. कार्यवाही खातीर रान खातें आनी नगरपालिका प्रशासन खात्यांच्या अधिकाऱ्यांची समिती स्थापन करतले अशी म्हायती रान खात्याचे मंत्री विश्वजित राणे हांणी दिली.

रान मंत्री विश्वजित राणे हांचे अध्यक्षते खाला बसका जाली. हे बसकेंत येवजणेच्या कार्यवाहीचेर विचार केलो. स्टुडीओ पीओडी हे एजन्सीचे मजतीन प्रकल्पाची कार्यवाही जातली. नगरपालिका वाठारांतले मेकळे सुवातींचो सोद घेतले. हें काम नगरपालिकेक करचें पडटलें. नगरपालिकां कडल्यान सुचवण्यो मागयतले. मेकळ्या सुवातांचो सोद घेतले उपरांत टप्प्याटप्प्यांनी झाडां लावन ग्रीन लंग्स उबारतले. कार्यवाही तशेंच आढावो घेवपाक समिती स्थापन करपाचेर चर्चा जाली. मेकळ्या सुवातांचो सोद आनी सुचवण्यो आयले उपरांत फुडलीं कामां सुरू जातलीं, अशी म्हायती एका अधिकाऱ्यान दिली. नगरपालिकांक जो निधी दितात ताचो वापर ग्रीन लंग्स खातीर करतले. गरज पडल्यार खास निधीची तरतूद करतले, अशी माहिती अधिकाऱ्यान दिली.

देशांतली नुस्त्याची निर्गत दुपेटीन वाडोवपाचें ध्येय सरकारान थारायलां आनी हे खातीर नुस्त्याचे उत्पादनमोल वाडवपासयत मुळावी बांदावळ घटमूट करप खूब म्हत्वाचें आसा अशे केंद्रीय नुस्तेमारी आनी पशुपालन मंत्री राजीव रंजन सिंगान आयज सांगलें.

येरादारी 60

येरादारी संचालनालयान मार्च 2025 वर्सा जारी केल्ल्या अपघात आनी चालनांचो म्हयन्याळो अहवाल तयार केला. ह्या म्हयन्यात 198 रस्त्यार अपघात जाले, तातूंतले 20 घातक अपघात 18 गंभीर अपघात जालयार 44 ल्हान अपघात आनी 116 जखमी नाशिल्ले अपघातंचो आसपव आसा अशे अहवालांत म्हळां.

रस्त्या अपघातांत मरण आयिल्ल्याची वट्ट संख्या 20 आसा 24 जाण गंभीर जखमी जाल्यात जाल्यार 65 जाणांक ल्हान जखमी जाल्यात .

मलेरिया डे - 45

मलेरिया दुयेंती उणे करपाच्या रणनितीचेर भर दिवपा खातीर, दर वर्सा 25 एप्रीलाक संवसारीक मलेरिया दीस मनयतात. हाचे फाटभुयेर aayj सकाळीं 10.00 वरांचेर पणजेच्या इन्स्टिट्यूट मेनेझेस ब्रागांझाच्या सभाघरांत, राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळीचे आयोजन केला, अशी म्हायती भलायकी खात्यान दिल्या.

दिवचल नगरपालिका मंडळाची बसका kaal जाली. हे बसकेंत स्टँडिंग कमिटीचेर नगरसेवक सुदन गोवेकर आनि रियाज बेग यांची बिनविरोध निवड जाली. दिवचल नगरपालिकेच्या आज झाल्या स्टँडिंग कमिटीचे बस्केत सुदन गोवेकर ,रियाज,बेग आणि रंजना वायंगणकर या तीन नगरसेवक अर्ज घेवन गेल्ले. मात रंजना वायगणकर हिणें आपलो अर्ज सादर करूंक नाशिल्ल्यान रियाज बेग आणि सुधन गोवेकर हे दिवचल नगरपालिकेच्या स्टँडिंग कमिटीचेर बिनविरोध वेंचून आयले. नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर आणि पालिका मंडळाचे हेर सगळे नगरसेवक हजर हे वेळार हजर आसले. रियाज बेग आणि सुजन गोवेकर हाणीं नगरपालिकेचे स्टँडिंग कमिटीचेर बिनविरोध निवडून आयल्या खातीर पालिका मंडळाचे आभार मानले तसेच सगळे तरेचे मतभेद विसरून दिवचल शहराच्या उदरगती खातीर एकवटान आम्ही वावुरतले.

राजेश 50

रवींद्र भवन साखळी हाणीं मुंबईचे नामनेचे लेखक ,दिग्दर्शक, गीतकार,आनी अभिनेते राजेश देशपांडे यांच्या पुढारपणाखाला नाट्य कार्यशाळा आयोजित केल्या .हे नाट्यकार्य शाळेत श्री राजेश देशपांडे हे लेखन दिग्दर्शन अभिनय संवादलेखन आणि नाट्य क्षेत्रातले हेर गजाली शिकयतले. ही नाट्य कार्यशाळा 30 एप्रिल 2025 मेरेन चलतली अशें रवींद्र भवनाचे उपाध्यक्ष दत्ताराम चीमूलकर हाणीं सांगलें.

साखळेच्या रवींद्र भवानात राजस्थान हांगासरली नामनेची राज योगिनी ब्रह्मकुमारी डॉक्टर उषा दीदी हांचे aaayj व्याख्यान आयोजित केला. रवींद्र भवनाच्या श्री मनोहरबुवा शिरगावकर सभागृहात सांजे साडेसवरांचेर ही कार्यावळ जातली .हे कार्यशाळेत डॉक्टर उषा दीदी ताणतणाव व्यवस्थापन आणि आनंदाची संधी घेयात या विषयाचेर मार्गदर्शन करतली .चढानचढ लोकांनी हे कार्यावळीक हजर रावचें असे आवाहन साखळी रवींद्र भवन च्या आयोजकांनी केला.

तापमान

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी वाडल्या.पणजेचें तापमान चडांत चड ३५.५ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २४ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां.

क्रिकेट ५०

आयपीएल क्रिकेट सतींत काल सांजे जाल्ल्या खेळांत राजस्थान रॉयल्स पंगडान गुजरात टायटन्स पंगडाचेर आठ विकेटींनी जैत मेळयलें. गुजरात टायटन्सान काडिल्ल्या २१० धांवड्यांचेर लक्ष्य दवरून राजस्थान रॉयल्स पंगडान २१२ धांवड्यो काडून हें जैत मेळयलें.

आयज दिल्ली कॅपिटल्स आनी कोलकाता रायडर्स हांचे मदीं नवी दिल्लीं खेळ जातलो.